# राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक बैसाखी सणाची परबीं

ता. 13 एप्रिल 2026

गोंयचे राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी बैसाखी सणानिमतान गोंयच्या लोकांक आनी खास करून आमच्या शीख भावांक तशेंच देशांत आनी विदेशांत हो खुशालकायेचो उत्सव मनोवपी सगळ्यांक उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, बैसाखी सणान लुंवणीचो हंगाम सुरू जाता आनी हो सण शीख समाजा खातीर खुशालकाय, उपकार आनी नव्या सुरवातीचो उत्सव आसा. ह्या सणाक व्हड इतिहासीक म्हत्व आसा, खालसा पंथ स्थापणूकेचो हो उत्सव, जो धाडस, एकजूट आनी निसुवार्थ सेवा भावनेचे प्रतिक जावन आसा.

हो शुभ दीस आमकां परिश्रम, लवचीकताय आनी आमचो आशिर्वाद एकामेकाक दिवपाच्या म्हत्वाचो उगडास करून दिता. ह्या सणाचो सलोखो आनी एकवटाचो संदेश भावपण आनी परस्पर आदराचे नाते घट करपाक आमकां सतत प्रेरणा दिता.

हो सण सगळ्यांच्या जीणेत खुशालकाय, समृध्दी आनी बरी भलायकी घेवन येव आनी शांतीकाय, प्रगती आनी आस्पावीत उदरगती खातीर आमची एकवटीत जापसालदारकी आनीक मजबूत जांव.

ह्या वर्सा बैसाखी सण प्रत्येकाक खुशालकाय आनी समृध्दी घेवन येव, अशें हांव मागता, अशें राज्यपालान संदेशात म्हणला.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/249

--
------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.